**राज्यपाला हस्तुकीं राजभवनार एटीएम चे उकतावण**

ता. 1 जुलय 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी आयज राजभवनार स्टेट बँक ऑफ इंडियान बसयिल्ल्या एटीएम मशीनाचे उकतावण केले.

राज्यपालाचे सचिव श्री. रूपेश कुमार ठाकुर आनी एसबीआय चे उपसरवेवस्थापक श्री. नवीन कुमार गुप्ता ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना राज्यपालान राजभवनार एटीएम मशीन सुविधा बसयिल्ले खातीर स्टेट बँक ऑफ इंडियाची तोखणाय करून राजभवन कर्मचाऱ्यांक ह्या सुविधेचो बरो फायदो जातलो, अशें म्हणले. बँकेच्या कर्मचाऱ्यांनी आपल्या गिरायकांक आनी गरजू लोकांक आपलो वेवसाय सुरू करपाक बरेतरेन आर्थिक मदत सुविधा दिवन बँकेचे गिरायकांकडले बरे संबंद राखचे अशें सांगून राज्यपालान राजभवना वयली एटीएम सुविधा डिजिटलायजेशनाचो एक पांवडो आशिल्ल्याचे म्हणले.

श्री. रूपेश कुमार ठाकुर हांणी सांगले, राजभवन कर्मचाऱ्यांकडल्यान एटीएम ची मागणी आशिल्ली आनी ती आयज पुर्ण जाता. राजभवना वयलो सगळो दिसपट्टो पयशांचो वेव्हार कॅशलेस पद्दतीन जाता, अशेंय तांणी सांगले.

एसबीआय च्या दोनापावला शाखेच्यो वेवस्थापक श्रीमती लता माशेलकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. एसबीआयचे उपसरवेवस्थापक श्री. नवीन कुमार गुप्ता हांणी निमाणे उपकांर मानले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/355

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA